**पोटवेंचणूक जावपी पंचायत**
**वार्डातली सोरो विक्री आस्थापनां बंद दवरपाचो आदेश, सोरो येरादारीचेर निर्बंध**

ता. 2 मार्च 2026

चांदेल-हंसापूर ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1, मांद्रे ग्रामपंचायतीचो वार्ड-4, पिळगांव ग्रामपंचायतीचो वार्ड-7, लाटंबार्से ग्रामपंचायतीचो वार्ड-3, पिळर्ण-मार्णा ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1, सिरसय ग्रामपंचायतीचो वार्ड-6, साल्वादोर द मुंद ग्रामपंचायतीचो वार्ड-2, कांदोळी ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1, आके-बायश ग्रामपंचायतीचो वार्ड-6, बोरी ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1, वेलिंग-प्रियोळ ग्रामपंचायतीचो वार्ड-3, भोमा-अडकोणा ग्रामपंचायतीचो वार्ड-3, बाळ्ळी-अडणे ग्रामपंचायतीचो वार्ड-8 आनी लोलये-पोळे ग्रामपंचायतीचो वार्ड-8 खातीर 8 मार्च 2026 दिसा पोटवेंचणूक जावपाची आसून सरकारान मतदान दीस आनी मतमेजणीच्या फांटभुंयेर पोटवेंचणूक जावपी वार्डांतलीं सगळीं सोरो विक्री आस्थापनां, दुकांना, बार्रां ता. 7, 8 आनी 9 मार्च 2026 दिसा बंद दवरपाचो आदेश दिला. बार्र आनी रेस्टोरंट परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले. बार्र काऊंटर बांद दवरचो पडटलो आनी वयल्या दिसांनी सोरो विकपाक मेळचो ना.

तशेंच वयल्या दिसांनी पोटवेंचणूक जावपाची आशिल्ल्या वार्डांनी खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/151

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.